<u>राश्ट्रीय खबरो, 16 ऑगस्ट 2026, 6.30 वरां</u>

अमित शहा 155

भारताक 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्र करपाचें ध्येय साध्य करपा खातीर तरणाटे, गरीब, बायलो आनी शेतकारांक सशक्त करप गरजेचें आसा अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांणीं सांगलां. राजस्थानांतल्या 17 जिल्ह्यांतल्या 6 हजार चारशें त्रिपन्न उदरगतीच्या प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयले उपरांत तशेंच उक्तावण केले उपरांत ते आयज राजस्थानां तल्या अलवरांत एका कार्यावळीक संबोधीत करतनां उलयताले.

ह्या वेळार उलयतनां घरमंत्री शहा हांणी सांगलें.

हे पयलीं घरमंत्री अमित शहा हांचे हस्तुकीं आयज राजस्थानांतल्या चित्तोरगढ जिल्ह्यांतल्या निंबाहेरा हांगासर, अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या पुण्यतिथी निमतान तांच्या पुतळ्याचें तशेंच वेगवेगळया उदरगतीच्या प्रकल्पांचें उक्तावण जालें.

आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी प्रधानमंत्री जावचे पयलीं ते विरोधकांत बरोच काळ रावले, पूण तांणी आपल्या तत्वां कडेन केन्नाच तडजोड केली ना अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांणीं सांगलें. ताकाच लागून वाजपेयी हांका “अजातशत्रु” म्हणजेच दुस्मान नाशिल्लो व्यक्ती म्हणून वळखताले अशें तांणी सांगलें.
प्रधानमंत्री म्हूण वाजपेयी सदांच ‘राष्ट्र पयली’ दवरताले आनी जायते इतिहासीक निर्णय घेताले अशें शहा हांणीं सांगलें.

पीएम 70

संसद आनी राज्य विधानसभांनी बायलांचें आरक्षण राजकी झगड्यो करिनासतना चालीक लावपाक आदार दिवचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगळ्या पक्षांक मारला.

लाल किल्ल्यावेल्यान देशाक उद्देशून केल्ल्या स्वातंत्र्य दिसाच्या भाषणात प्रधानमंत्री मोदी हांणीं महिलांचे सन्मान करपा खातीर

आनी देशांतल्या बाय़लांक विधानसभा आनी लोकसभेत बेगीनांत बेगीन ३३ टक्के प्रतिनिधित्व मेळटलें हाची खात्री करपा खातीर फुडें येवचें अशें आवाहन केले. भारताची धोरणां निश्चित करपाक योगदान दिवपाची संद महिलांक लेगीत मेळपाक जाय अशें प्रधानमंत्र्यांनीं सांगलें.

NTA 45

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन  U-G-C- NET जून २०२६ परीक्षेच्या चौद्यांयशीं विशयां खातीरची तात्पुरती  आन्सर की जाहीर केल्या .

NTAन आन्सर की विशीं आक्षेप नोंद करपा खातीर सुविधा लेगीत सुरू केल्या ती  १८ ऑगस्ट मेरेन उत्ती आसतली.  उमेदवार अधिकृत UGC-NET पोर्टला वरवीं ऑनलायन पद्धतीन आन्सर कीचेर आक्षेप नोंद करपाक शकतात.

फॅक्ट चॅक 75

पाकिस्तानांतल्या प्रचारकी खात्यां कडल्यान (प्रोपगंडा अकाउंट्स) सोशल मीडियाचेर पसरोवपी एका व्हिडियोंतलो दावो सरकारान फटीचो आशिल्ल्याचें म्हळां. ह्या व्हिडिओंत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणीं राफायल विमानांक़डेन संबंधित चवकशी आयोग स्थापन करपा बाबतींच विधान केल्ल्याचो दावो केला.

प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या  'फॅक्ट चॅक युनिटान हो दावो फटीचो आशिल्ल्याचें म्हळां. भारताच्या राश्ट्रपतींनी अशे तरेचें कसलेंच विधान करूंक नाशिल्ल्याचें पीआयबीन स्पश्ट केलां.  तशेंच, नागरिकांक सादूर रावचें आनी सत्यापीत म्हायती खातीर फकत अधिकृत स्रोतांचेर आदारून रावपाचो उलो  प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोन मारला.

झारखंड 65

झारखंडांत, झारखंड लोकसेवा आयोगाची आनी  जे.एस.एस.सी परिक्षांच्या उमेदवारांचे आंदोलन अदीक खर जालां.  भरती परिक्षांनी जाल्ल्या अनियमिततायेक लागून विद्यार्थ्यांनी नव्यो निशेध कार्यावळी जाहीर केल्यात.

आंदोलनाच्या फुडल्या पांवड्याचो एक भाग म्हूण विद्यार्थी फुडाऱ्यांनी आयज झारखंडांतल्या सगल्या 24 जिल्ह्यांनी मुखेलमंत्री हेमंत सोरेन आनी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांचीं प्रतिमा जळयतले अशें जाहीर केलां. तांच्या आंदोलनाचो आयज बाविसावो दीस आसून आजून तांच्यो मुखेल मागण्यो  सुटाव्यो जावंक नाशिल्ल्याचें विद्यार्थ्यांनी सांगलें.

पावस 120

बंगालच्या वायव्य खाडीचेर  उण्या दाबाच्या पट्ट्याक लागून उत्तर ओडिशांत हुंवाराची भिरांत वाडल्या आनी मंगळारा मेरेन उटंगरांचो पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान विभागान उक्तायला.

बैतरणी, ब्राह्मणी, सलांडी, जलका आनी बुढाबळंगा न्हंयांनी हुंवार आयिल्ल्यान जायते वाठार उदका पोंदा गेल्यात.  हे खातीर स जिल्हे – बालासौर, भद्रक, जाजपूर, मयूरभंज, केओनझार आनी केंद्रपारा हाय अलर्टाचेर दवरल्यात.

पांचशें वयर गांवांतल्या सुमार दोन लाख सत्तर हजार लोकांचेर ताचो परिणाम जाला. पंच्याण्णव हजारां परस चड लोकांक राबितो शिबिरांनीं व्हरून थंय शिजयल्लें जेवण, पिवपाचें उदक आनी वैजकी मजत दिवपाची वेवस्था केल्या.

व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आशिल्ल्यान अधिकारी हाय अलर्टाचेर आसात. आंगुल जिल्ह्यांत हुंवाराच्या पावसाक लागून पल्लाहारा बाजारांत उदक भरलां, जाल्यार पल्लाहारा ते ताल्चेर मुखेल रस्त्याचेर हुंवाराचें उदक व्हांवत आशिल्ल्यान हालचालींक आडमेळीं येतात आनी थंयच्या नागरिकांच्यो अडचणी वाडत आसात.